# रेंदेरांनी आपल्या पारंपारिक वेवसायात सुदारणा करपाचो मुख्यमंत्र्याचो उलो

ता. 14 जानेवारी 2020

रेंदेरांनी आपल्या पारंपारिक वेवसायात सुदारणा करून सुरी पासून नवीन उत्पादनां तयार करची आनी आपली येणावळ वाडोवची, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज आल्तिनार आपल्या सरकारी बंगल्यार गोंय रेंदेर कल्याण निधी मंडळ आनी अखील गोंय रेंदेर संघटनेच्या प्रतिनिधींच्या बसकेत उलयताना सांगले.

मुख्यमंत्र्यान बसकेत रेंदेरांच्यो समस्यां आनी मागण्यो आयकून घेतल्यो. आयज रेंदेरांची संख्या दिसान दीस कमी जायत आसून तांणी आपलो पारंपारिक वेवसाय पुनर्जीवीत करपा खातीर सूरी पासून तयार केल्ली नवीन उत्पादनां बाजारांत हांडपाक जाय. हो पारंपारिक वेवसाय वाडोवपा खातीर तरणाट्यांनी ह्या वेवसायात देवपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

रेंदेर समाजाच्या कल्याणाखातीर येवजणो राबोवपा खातीर रेंदेर कल्याण निधी संघटनेन गोंय जैवविविधता मंडळ आनी गोंय नाल्ल विकास मंडळाकडेन समन्वय करपाची सुचोवणी मुख्यमंत्र्यान बसकेत केली. मुख्यमंत्र्यान गोंयच्या रेंदेर समाजाक शक्य आसा ती मदत करपाचेय उतर दिले.

बसकेक सहाय्यक अबकारी आयुक्त श्री. नवनाथ नाईक, रेंदेर कल्याण निधी मंडळाचे अध्यक्ष सायमन डिसौजा, अखील गोंय रेंदेर संघटनेचे अध्यक्ष रेमी बोर्जीस, जनरल सेक्रेटरी मारीयो कुतिन्हो आनी हेर प्रतिनिधी हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/44

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA